# आयटीआय अभ्यासक्रम परीक्षांचो निकाल जाहिर

ता. 3 मे 2018
13 वैशाख 1940

परीक्षा मंडळान मार्च -एप्रिल 2018 त घेतलेल्या (एनसीव्हीटी/एससीव्हीटी) अखिल भारत/अखिल गोंय कारागिर अभ्यासक्रम परीक्षांचो निकाल जाहिर केला आनी निकाल संबंदीत आयटीआय केंद्राच्या नोटिस बोर्डाचेर लायला.

अनुत्तीर्ण विद्यार्थ्यांनी ऑगस्ट 2018 त घेवपात येवपी परीक्षेक बसपाखातीर संबंधीत आयटीआय केंद्रात संपर्क करचो. संबंदीत आयटीआय केंद्राचेर अर्ज स्वीकारपाची निमणी तारीख 15 मे 2018 आसा आनी हे अर्ज चलन आनी हेर दाखल्यासयत संबंदीत आयटीआय केंद्रांकडल्यान ता. 25 मे 2018 मेरेन कौशल्य विकास आनी उद्देजकता विभाग, पणजी हांगा पावपाक जाय.

तशेंच गुण फेरतपासणीखातीर संबंधित आयटीआय केंद्रात ता. 11 मे 2018 मेरेन अर्ज स्वीकारतले आनी असे अर्ज 14 मे 2018 मेरेन संबंधित आयटीआय केंद्राकडल्यान परीक्षा विभागांत पावपाक जाय.